# मिनेझिस ब्रागांझा संस्थे वतीन हिंदी सृजनोत्सव कार्यावळीचें आयोजन

ता. 23 सप्टेंबर 2025

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेन हिंदी दिसानिमतान 30 सप्टेंबर 2025 दिसा सकाली 9.30 वराचेर "हिंदी सृजनोत्सव" कार्यावळीचें आयोजन केला. ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण संस्थेन गोंयच्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर हिंदी भाशेंत एकपात्री, कविता सादरीकरण, निबंद लेखन, वक्तृत्व, स्कॅच तयार करप आनी देशभक्ती गीत गायन सर्तींचें आयोजन केला. सर्तींच्या जैतिवंतांक ट्रॉफी आनी रोख इनामां भेटयतले. तशेंच ह्या कार्यक्रमात गोंय विद्यापिठात बीए आनी एमए च्या परिक्षेत हिंदी विशयांत गुणवत्ता मेळयिल्ल्या विद्यार्थ्यांचो सन्मान करतले.

मुंबयचे नामनेचे साहित्यिक श्रीमती मधू कनकारिया हांच्या हस्तुकीं हिंदी सृजनोत्सवाचे उक्तावण जातले. गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापिठाच्यो अध्यक्ष श्रीमती कृष्णी के. वाळके, मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेचे अध्यक्ष दशरथ परब, समन्वयक डॉ. आशा घेहलोत आनी मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेचे वांगडी सचीव कार्यावळीक उपस्थित आसतले. अदीक म्हायती खातीर 9421868322 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/775

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.